# मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं राधाकृष्ण मुरलीधर संस्थानाच्या सुशोभिकरण कामाचे उक्तावण

ता. 12 ऑक्टोबर 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी हालीच सांखळीच्या श्री राधाकृष्ण मुरलीधर संस्थानच्या सुशोभिकरण कामाचे उक्तावण केले.

पर्यटन खातें आनी गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळान आयोजीत उक्तावणाच्या कार्यक्रमात उलयताना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांखळी मतदारसंघातल्या वाठारांत अनेक विकास प्रकल्प पुर्ण केल्ले आसून सांखळी शाराक जोडपी दळणवळणाच्यो आधुनिक सुविधां निर्माण करपा खातीर प्रयत्न चालू आसा आनी ह्या सुशोभिकरण प्रकल्पाची सांखळी आनी सरभोवतणच्या वाठारांच्या सोबितकायेत भर घालपात नक्कीच मजत जातली, अशें सांगलें. ह्या सुशोभिकरण कामाखातीर 4.5 कोटी रूपया खर्च केला. मुख्यमंत्र्यान देवस्थान समितीक सुशोभिकरण कामाची देखभाल करपाक सांगून हरवळेच्या रूद्रेश्वर देवस्थानचेय रोखडेच सुशोभिकरणाचे काम करतले, अशें सांगलें.

गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळाचे अध्यक्ष आनी आमदार श्री. दयानंद सोपटे, सांखळीचे नगराध्यक्ष श्री. राया पार्सेकर, नगरसेवक श्री. दयानंद बोर्येकर, श्रीमती रश्मी देसाय, जिल्हा पंचायत वांगडी श्री. गोपाळ सुर्लकर, राधाकृष्ण मुरलीधर संस्थानचे अध्यक्ष श्री. अनिल एन. काणेकर, वांगडी श्री. दिपराज प्रभू हेवूय ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळाचे अध्यक्ष आनी आमदार श्री. दयानंद सोपटे हांणी राज्यांत ग्रामीण पर्यटनाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर सरकारान अनेक प्रकल्प हातांत घेतिल्ल्याचे सांगलें.

वर्षा मळीक हांणी कार्यावळीचे सुत्रसंचालन केलें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/849

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji